RASHMI 140

विकसित भारत करतना नारी शक्तीक सक्षम करपाक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी विशेश महत्व दीला.बेटी बचाओ,बेटी पढाओ,राजकारणात बायलांक 33% आरक्षण, बायलांचेर जावपी अत्याचाराआड खर कायदे,उद्देग मळार संद आनी वेगवगळ्यो महत्वाच्यो येवजण्यो चालीक लांवन बांयलांक सक्षम करपाक भाजपाच्या सरकारान महत्व दीला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. बायलांक सक्षम करपाक चालीक लायिल्ले कायदे ,तांची अमंलबजावणी आनी फुडारात हे वीशी घेवपाचे महत्वाचे निर्णय ह्या विशयाचेर ते गोयांत आयोजीत केल्ल्या 3 दीसाच्या कार्यावळीच्या उक्तावण सुवाळ्याक उलयताले. ह्यावेळार राश्टीय बायला आयोगाची अध्यक्ष विजया रहाटकार,गोय राज्य बांयला आयोगाची अध्यक्ष रणजीति पै तशेच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले. बायलांक सक्षम करपाक सरकारान ज्यो येवजण्यो चालीक लायल्यात ताचो लाव बायला मेरेन पावयात,तशेंच बायलाआड जावपी अत्याचाराआड कायद्याप्रमाण खर कारवाय करात अशे हे वेळार विजया राहाटकार हांणी म्हणला ,जाल्यार गोयात सध्या बायला आयोग कसली प्रकरणा हातिळतात ते वीशी रणजीता पै हीणे म्हायती दीली. 3 दीसाच्या ह्या कार्यावळीत णव राज्यातल्या 24 जिल्होधिकाऱ्यानी वाटो घेतला

महेश 140

आदले मुख्यमंत्री तशेच संरक्षण मंत्री सरगेस्त मनोहर पर्रीकार हांच्या पुण्यतिथि निमतान मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी मीरामारांवेल्या समाधी स्थळाक भेट दिवन श्रद्धांजली ओपली. मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी भाजपा प्रदेश अध्यक्ष दामू नायक हांचे वांगडा समाधी स्थानांत मनोहर पर्रीकार हांच्या पुतळ्याचेर पुष्पहार आणि पुष्पचक्र अर्पण करून श्रद्धांजली ओपली.या वेळार मुख्य सचिव डॉ. व्ही.कांदवेलु ,उत्तर गोवा जिल्हाधिकारी डॉ. स्नेहा गीते,आइजीपी ओमवीर सिंग बिश्नोई,दक्षिण गोवा जिल्हाधिकारी इग्ना क्लीटस,मनोहर पर्रिकर यांचे पूत उत्पल पर्रीकार हाजीर आशिल्ले. मनोहर पर्रीकार हे आधुनीक गोंयचे शिल्पकार आशिल्ले तांकां जाय

आशिल्ले प्रकल्प पुराय करून गोंयची उदरगत करपाचो वावर सदांच चालू उरतलो अशे मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत, उलयले. आदले मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकार यांचे नाव घेतल्या शिवाय एकय दीस वचना. पर्रिकर हांचो आदर्श घेऊन भावी पीळगी लेगीत गोयच्या जडण घडणीत योगदान देतली हातूंत दुबाव ना अशे भाजपा प्रदेशाध्यक्ष दामू नाईक उलयले. उपरांत मुख्यमंत्र्यान ज्येश्ठ पत्रकार श्रीमती सुहासिनी प्रभूगांवकार हांणी बरयिल्ल्या “व्यक्तित्वां शीमे पलतडची” ह्या कोंकणी पुस्तकाचें विमोचन केले.

रश्मि 160

एप्रीला सांवन शैक्षणिक वर्स सुरू जावपी राज्य सरकाराच्या निर्णयाक आम आदमी पक्षाची फुडारी सीसील रोड्रीग्स हाच्या फुडारपणाखाला आयज उत्तर आनी दक्षीण गोयच्या पालकांनी एकठाय येवन विरोध करपी निवेदन पर्वरे शिक्षण संचालनालयाक दीला. गोयात आति गरमीचो हंगाम अशा वातावरणात शाळा सुरू करप योग्य जायना,तशेंच सकाळी 11.30 शाळा सुटपाचो निर्णय पालकांक तांच्या भुरग्यांक शाळेतल्यान हाडपाक योग्य थारना, शाळाच्या पाठ्य पुस्तकांनी ज्यो चुको आसात त्यो शिक्षण खात्यान पयली सारख्यो करच्यो,राज्यातल्या कांय शाळानी प्रसाधनघर, लायटी सारख्यो मुळाव्यो सुविधा ना,अभ्यासक्रम पयलीच बशेन आसतना शाळा बेगीन सुरू करपाचे कारणुच कीते असो प्रस्न पालकांनी ह्या निवेदनातल्यान शिक्षण खात्याक केला. तशेंच एप्रीलासावन शैक्षणीक वर्स सुरू करपाच्या निर्णयाच्या फांटभुयेर पालकां कडल्यान तशेंच शाळेंच्या पालक शिक्षक संघाक हरकती तशेच सुचोवण्यो दीवपाक फकत 5 दीसांचोच वेळ दीला ,तातुलेय 3 दीस म्हणल्यारूच 14 तारखेक होळी,15 तारखेक शेनवार आनी 16 तारखेक आयतार आयील्यान पालकांक हरकती आनी सुचोवण्यो दीवपाक फकत दोनुच दीसांची मुजत दील्या म्हण पालकांनी तीडक उक्तायला.सरकारान शैक्षणीक वर्स एप्रीलान सुरू करपाचो निर्णय बदलचो अशी मागणी ह्यावेळार पालक तशेंच पालक शिक्षक संघटनेच्या वांगड्यांनी केला.

रश्मि 160

साळगांव,कळंगुट आनी शिवोलेल्या हेर विद्यार्थ्यां सयत णव्वी आनी धावी यत्तेच्या विद्यार्थ्यांक ह्या वर्सासावन शाळांनी माधान्य आहार दीतले अशी घोशणा मुखेलमंत्री तशेच शिक्षण मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी केल्या. शाळांतल्या विद्यार्थ्यांक माधान्य आहार दीवपाक राज्य सरकारान iskon संस्थेच्या अक्षय पात्र ह्या केटरींग सर्विसीक काम दीला.अक्षय पात्राच्या 78व्या रांदच्या कुडीचे उक्तावण आयज मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले.राज्यातल्या शाळांनी आप मजत गटावतीन दीवपी माधान्य आहारांचे कंत्राट सरकार रद्द करचे ना,मात तांणी अन्नाचो दर्जो आनी पुश्टीकताय सामाळची अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला. पुर्णवेळ शाळा सुरू जायत जाल्यार अक्षय पात्रा वरवी दनपारचे जेवणुय सरकार विद्यार्थ्यांक दीतले अशे तांणी म्हणला.हे शिवाय होस्पीटल, बंदखणी तशेच हेर सरकारी भौशीक उपेगांच्या थळार अक्षय पात्रावरवी कॅन्टीन सूरू करपाचो सरकाराचो विचार आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. साळगाव आपत्ती वेवस्थापनाच्या केद्रात जशे ही रांदची कुड सुरू केला तशींच दक्षीण गोयातुय विद्यार्थ्यांखातीर माध्यान्य आहार पुरोवपी अक्षयपात्राची रांदची कुड सरकार सुरू करतले अशे तांणी सांगले. सध्या अक्षय पात्रावरवी देशातल्या 23 लाख विद्यार्थ्यांक माध्यान्य आहार दीतात,विद्याथ्यांक शैक्षणीक बऱ्या साधन सुविधासयत बरो आहारूय मेळप गरजेचे अशे ह्यावेळार अक्षयपात्राचे व्यवस्थापकीय संचालक चंचलपती दासा हांणी म्हणला. ह्या कार्यावळीक साळगावचे आमदार केदार नायक, शिक्षण खात्याचे सचीव प्रसाद लोलयेकिर,उत्तर गोंय जिल्होधिकारी स्नेहा गीते,national payments corporation of india चे अधीकारी दीलीप आझमी,पालक,विद्यार्थी साळगाचे पंचायत मंडळ तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशील्ले.

योगीश 40

गांधर्व महाविद्यालयाच्या बालभवन पणजी केंद्राचो नोवेंबर – डिसेंबर 2024 चो संगीत, गायन, वादन आनी नृत्य परीक्षांचो निकाल जाहीर जाला. सविस्तर निकाल

गांधर्व महाविद्याल मुंबयच्या संकेत थळार आसा आनी विद्यार्थ्यानी आपली प्रमाण पत्रा 312 मार्च म्हणसर घेवन वचची अशे संचालक मनोज सावयकार हाणी कळीत केला

रश्मि 110

गोंय विद्यापीठात पेपर फुट जाल्ल्याची कसलीच कागाळ ना, तशेच विद्यापीठात पेपर फुट जाला अशे सीद्ध करपी पुरावो लेगीत ना अशे गोय विद्यापीठाचे कुलगुरू हरीलाल बी मेनन हांणी म्हणला.ह्या प्रकरणात तथ्य आसा काय ना ताचो सोद घेवपाक दोन मनशांची खासा समीती नेमल्या.48 वरांभीतर ही समीती अहवाल दीतली .ते उपरांतीच फुडली कारवाय जातली अशे कुलगुरू हरीलाल मेनन हांणी म्हणला.जाल्यार चवकशी सुरू आसतना संबंधीत दुबावीत assistant professor प्रणव नायक हाका निलंबीत केला. इतले मजगती गोय विद्यापीठाच्या एका प्रोफेसरान विद्यार्थी आशील्ल्या आपल्या एका इश्टीणीखातीर पेपर फुट केल्ले प्रकरणात ताका निलंबीत करात अशी मागणी अखील भारत विद्यार्थी परीशदेच्या गोंय फाट्याच्या वांगड्यानी गोय विद्यापीठ वाठारात आंदोलन करून केला,जाल्यार कॉग्रेसीच्या NSUI विद्यार्थी संघटनेन हे वीशी अगशी पुलीस स्टेशनाचेर कागाळ नोंद केला ,गोवा फोवर्ड पक्षाच्या विद्यार्थी संघटनेन ह्या प्रकरणात दोशी आशील्ल्यांचेर खर कारवाय करची अशी मागणी केल्या.

सुशांत 110

कुंकळ्ळी मतदारसंघा खाला आशिल्ल्या बाळ्ळी पंचायत वाठारांतल्या रस्त्यांचे साडे स कोटी रुपया खर्च करुन हॉटमिक्स डांबरीकरणाचे काम सुरु केलां.आयज ह्या कामाचें उक्तावण विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी केलें. आपल्या मतदारसंघाखाला येवपी बाळ्ळी वाठारांतल्या सगळ्या रस्त्यांचें डांबरीकरण पावसाच्या आदीं पुराय जातलें अशें आश्वासन आलेमाव हांणी ह्यावेळार दिलें.

सध्या बाळ्ळी वाठारांत १० किलोमीटर आनी अंबावली पंचायत वाठारांत 13 किमी. रस्त्याचेर डांबर घालतले. ह्या डांबरीकरणाक लागून प्रवाशांक फायदो जातलो आनी ह्या वाठारांतली येरादारी सुरळीत जातली. थळाव्या लोकांक दिल्लें उतर आमी शक्य तितले पुराय करपाचो यत्न करतात अशें तांणी सांगलें.

कुंकळ्ळी गट काँग्रेसीचे अध्यक्ष आशिष नोरोन्हा, बाळ्ळीच सरपंच गोविंद फळदेसाय, पंच वांगडी नविता फळदेसाय, हर्षद परीट, पीटर फर्नांडीस आनी हेर मानेस्त ह्यावेळार हाजीर आशिल्ले.

सुभाष 100

२०२५-२६ शिक्षणीक वर्सा सावन आनीक २०० शाळा कोडिंग आनी रोबोटिक्स वर्ग घेवपी ‘लीड शाळां’ म्हूण मुखार येतल्यो. आनी उपरांत राज्यातले सुमार २० हजार विद्यार्थी रोबोटीक्स शिक्षण पाख्याखाला येतले अशी ' कॅरस▯ प्रकल्प जाळवण दारांनी दिल्या.

कोडिंग आनी रोबोटिक्स अभ्यासक्रम गोंयांतल्या सवी ते आठवी वर्गांतल्या सरकारी आनी अनुदानीत शाळांनी शिकयतात, कोडिंग आनी रोबोटिक्स एज्युकेशन इन स्कूल (केरेस) येवजणेखाला ही येवजण चालू आसा. २०२२-२३ वर्सा सुरू जाल्लो हो अभ्यासक्रम शिकोवपा खातीर ह्या शाळांनी प्रगत मुळावी बांदावळ सज्ज केल्या. सद्या ७,७०० विद्यार्थी शिकतात. २०२४-२५.वर्सा ही नोंदणी वाडून ११ हजार विद्यार्थ्यां मेरेन पावली. आतां नव्यांत हो आंकडो सुमार दुपेटीन वाडटलो असो अदमास आसा.

संतोष 85

वास्को मतदार संघातले भितल्ले रस्ते फुडल्या चार म्हयन्यां भितर हॉटमिक्सिंग करून पुराय करतले अशी  म्हायती थळावे  आमदार दाजी साळकार हानी दिल्या.खबरा कारांकडेन उलयताना आमदार साळकार हाणी म्हळा, की भितरल्या रस्त्यांकडेन फाटली १० ते १५ वर्सा दुर्लक्ष जाल्ल्यान थाळाव्या लोकांक ताचो खूपच त्रास जाता. फुडल्या चार म्हयन्यां भितर सगळ्या भितल्ल्या रस्त्यांचें हॉटमिक्सिंग करपाची प्रक्रिया पुराय जातली. आनी त्या उपरान्त मागीर शारांतल्या सौंदर्यीकरणाच्या कामाक हात घालतले. मजगती आदले मुखेलमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांच्या पुण्यतिथी निमतान बायणा रविंद्र भवन हांगा  आमदार संकल्प आमोणकार आनी आमदार दाजी साळकार हाणी  पर्रीकर हांका आर्गा ओपली.

DIP 110

गोंय राज्य सरकाराच्या समाज कल्याण संचालनालयान 25 वर्सां वा चड काळ अनुसूचीत जातीच्या कल्याणाखातीर काम करपी व्यक्तिकडल्यान डॉ. आंबेडकर सामाजिक पुरस्कारा खातीर अर्ज मागयल्यात. 14 एप्रिल 2025 दिसा  डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर जयंती दिसा रोख 25,000/- रूपया, शाल, श्रीफळ आनी प्रशस्तीपत्र स्वरूपात पुरस्कार भेटयतले.अनुसूचीत जातीतल्या घटकांचो सामाजिक, आर्थिक, शिक्षणीक आनी सामान्य जीणेचो दर्जो सुदारपा खातीर काम करपी व्यक्तिंक प्रोत्साहन दिवप हो ह्या येवजणेचो उद्देश आसा. ह्या पुरस्काराखातीर 60 वर्सां पिरायेवयली गोंयकार व्यक्ती अनुसूचीत जातीच्या कल्याणाखातीर फाटली 25 वर्सां काम करपी आसपाक जाय .

इत्सूक व्यक्तिंनी अर्ज आनी चड म्हायती खातीर समाज कल्याण संचालनालय, हांगा कामाच्या वेळेंत संपर्क करचो. पूर्ण भरिल्ले अर्ज आवश्यक दाखल्यां सयत स्वीकारपाची निमाणी तारीख 1 एप्रिल 2025 आसा.

17.03.2025 @ 7.20

नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी हयो आसात प्रादेशिक खबरो

आता काय मुखेल खबरो

वेगवगळ्यो महत्वाच्यो येवजण्यो चालीक लांवन बांयलांक सक्षम करपाक भाजपाच्या सरकारान महत्व दीला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

आदले मुख्यमंत्री तशेच संरक्षण मंत्री सरगेस्त मनोहर पर्रीकार हांच्या पुण्यतिथि निमतान मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हांणी श्रद्धांजली ओपली.

एप्रीला सांवन शैक्षणिक वर्स सुरू जावपी राज्य सरकाराच्या निर्णयाक पालकांनी उक्तायला विरोध

पुर्णवेळ शाळा , होस्पीटल, बंदखणी तशेच हेर सरकारी भौशीक उपेगांच्या थळार अक्षय पात्रावरवी कॅन्टीन सूरू करपाचो सरकाराचो विचार आसा अशे मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हाणी म्हळा

आनी इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो. आमचे मुखवेले प्रादेशिक खबरा पत्र तुमका आयकुंक मेळतले फाल्या सकाळी 7.25 मिनटांचेर नमस्कार